भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# बांयचेर आशिल्ली बायल

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जेजू आनी ताचे शिश्य सामरिया देशांतल्यान भोंवताले.
ते सायकर नांवाच्या शारांत आयले.



थंय एक बांय आशिल्ली, थंय सायकर लोक आपलें पिवपाचें उदक काडटाले. इज्रायल लोकांचो बापूय जाकोबान बऱ्याच आदीं ही बांय खणून काडिल्ली.



दनपारां पयलींच सुर्याचो उजवाड आनी गरमी आसली. थकून जेजू बांयच्च्या कुशीक बसलो आनी शिश्य अन्न विकतें घेवंक शारांत गेले.





जेजू एकटोच
आशिल्लो – पूण चड
काळ न्हय. सायकरांत
रावपी एक बायल
उदक काडपाक
आयली. “म्हाका
पिवपाक उदक दि”

जेजून तिका म्हणलें.



बायलेक अजाप जालें.
“तुमी ज्यू जावन म्हजे
कडल्यान, सामरी
बायलेक पिवपाक
उदक मागतात कशें?”
तिणें म्हणलें. त्या
काळार ज्यू लोकांचो
सामरी लोकां कडेन
कसलोच वेव्हार
नाशिल्लो!

जेजून म्हणलें, “हांव
कोण हें तुका कळ्ळें
जाल्यार, तु म्हजे कडेन
जिवें उदक मागतली.”





त्या बायलेन जेजूक म्हणलें,
“साहेब, तुका कांयच ओडपाक
ना आनी बांय खोल आसा. मागीर तुका तें
जिवें उदक खंयच्यान मेळटलें? तु आमच्या
बापाय जाकोबा परस व्हड आसा, जांणी
आमकां बांय दिली . . . ?”



“जो कोण हें उदक पियेता ताका परत तान लागता” जेजून त्या बायलेक सांगलें. “पूण जो कोण हांव दिता तें उदक पियेता ताका केन्नाच तान लागची ना. हांव दिता तें उदक... ताचे भितर सासणाच्या जिवितांत झरपी उदकाचो झरो जातलो.”

“गुरू, म्हाका हें उदक दि...” बायलेन म्हणलें.

जेजून त्या बायलेक वचून आपल्या घोवाक आपोवंक सांगलें. “म्हाका घोव ना” बायलेन जाप दिली. “तुका पांच घोव जाल्यात” जेजून म्हणलें. “आनी आतां तुका जो आसा तो तुजो घोव न्हय.”



जेजू एक संदेष्टो म्हण त्या बायलेक कळ्ळें. देवाची खंय आराधना करची हाचेर वाद घालपाक तिणें यतन केलो: जेरुसलेम वा सामरी लोकांचो पवित्र दोंगर. जेजून सांगलें की खरे उपासक आत्म्यान आनी सत्यान बापाची उपासना करतात.



“मेसियास येता हें म्हाका खबर आसा” त्या बायलेन जेजूक म्हणलें. “तो येतलो तेन्ना तो आमकां सगळ्यो गजाली सांगतलो.” “तुजे कडेन उलयता तोच हांव तो” जेजून तिका सांगलें. तेन्नाच शिश्य परत आयले. ती बायल आपली म्हत्वाची उदकाची मडकी थंय बांयच्या कुशीक सोडून शारांत परतली.





“येयात, पळय एक
मनीस, ताणें म्हाका
हांवें केल्लीं सगळीं
गजाली सांगलीं”
त्या बायलेन
सायकरच्या
मनशांक सांगलें.
“हो ख्रिस्त आसूं
येता?” जेजूक स्वता
पळोवंक वचपाक ते
दादले शार सोडून
गेले.

शिसांनी जेजूक जेवंक सांगलें. पूण जेजून म्हणलें, “म्हजें जेवण म्हळयार म्हाका धाडिल्ल्याची इत्सा करप, आनी ताचें काम पुराय करप.” ताचें काम म्हळयार लोकांक देवा कडेन हाडप.





त्या बायलेच्या
उतराक लागून
जायत्या सामरी
लोकांनी ताचेर
विस्वास दवरलो.
तांणी जेजूक
आपल्या वांगडा
रावपाक सांगलें;
आनी तो दोन
दीस थंय रावलो.



जेजूच्या उतराक
लागून आनीक
जायत्या जाणांनी
विस्वास दवरलो.
तांणी म्हणलें, "...
आमी स्वता
आयकलां आनी
जाणां की हो
खरोच ख्रिस्त,
संवसाराचो
सोडवणदार."

बांयचेर आशिल्ली बायल

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

जुांव ४

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16